# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं मुळाव्या शिक्षकांखातीरच्या निश्ठा प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 29 सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत प्राथमिक आनी पुर्व प्राथमिक शिक्षकांखातीरच्या निश्ठा (NISTHA 3.0) प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण केले. जिल्हा शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेन शिक्षण संचालनालय, एससीईआरटी आनी गोंय समग्र शिक्षा विभागाच्या जोड पालवान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान निश्ठा प्रशिक्षण कार्यक्रमावरवीं शिक्षकांची शिकोवपाची कुशळटाय सुदारतली आनी मुळाव्या पांवड्याचेर शिक्षणीक दर्जो वाडपाक मदत जातली अशें सांगून प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत करपाक फुडाकार घेतिल्ले खातीर शिक्षण संचालनालयाचे अधिकारी आनी शिक्षकांचे अभिनंदन केले.

निश्ठा (NISTHA 3.0) प्रशिक्षण कार्यक्रम 1 ऑक्टोबर 2021 सावन DIKSHA APP वा DIKSHA PORTAL वरवीं ऑनलायन आयोजीत करपात येतलो. हो प्रशिक्षण कार्यक्रम प्राथमिक, पुर्व प्राथमिक ते चौथी मेरेन शिकोवपी सगळ्यां शिक्षकांखातीर सक्तिचो आसा. 2021-22 शिक्षणीक वर्सात सुमार 5602 शिक्षकांक ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाखाला आस्पावन घेतले.

मार्च 2022 मेरेन प्रत्येक म्हयन्यात शिक्षकांखातीर दोन अभ्यासक्रम दितले आनी शिक्षकांनी सगळो अभ्यासक्रम पुर्ण करपाची गरज आसा. प्रत्येक अभ्यासक्रमाक कमीत कमी 70 टक्के गुण घेवपाक जाय.

शिक्षण संचालक श्री. भुषण सावईकर, एससीईआरटी संचालक श्री. नागराज होन्नेकरी आनी डीआयईटी चे प्राचार्य श्री. देवीदास कुडव कार्यक्रमाक हाजीर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/808

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji